Panaji

प्रादेशिक खबर

25.10.2025 @ 7.20 पीएम

- मापनशास्त्र नियंत्रकांची पयलेच फावट आयोजीत केली राष्ट्रीय परिशदेचे उक्तावण मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाणी केले.
- गोंयात वजन आनी माप खात्याची परीक्षण प्रयोगशाला स्थापन करपाचो विचार सूरू आसा अशे केंद्रीय वजन आनी माप खात्याचे मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी म्हळा.
- राश्टवादी कोग्रेस पक्ष गोयांत जावपी जिल्हो पंचायत वांगडी तशेंच नगरपालीकेची वेंचणुक लढयतली अशे राश्टवादी पक्षाचे राश्टीय मुखेल म्हणयारे ब्रीजमोहन श्रीवास्तव हांणी म्हणला
- देशाच्या वेगवेगळया भागात आज सावन चार दिस चलपी छठ पूजा उत्सवाक सुरुवात जाल्या
- फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देश वीदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडतले

कायदेशीर मापनशास्त्र, जरी तंत्रीक आसलें तरी, आमच्या दिसपट्ट्या जिविताचेर परिणाम करता, दर एका वेव्हारांत नितीमत्ता, अचूकता आनी पारदर्शकता सुनिश्चीत करता. आप मजत गटावरवी वेगवेगळे वेवसाय करपी नोंदणी, डिजिटल पालन, आनी भारत सरकारा कडल्यान मुळाव्या साधनसुविधांचो आदार सारकिले उपक्रम आमच्या नागरिक केंद्रीत प्रणालींक घटमूट करतात अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.ते मापनशास्त्र नियंत्रकांच्या पयलेच फावट आयोजीत केल्ल्या राष्ट्रीय परिशदेच्या उक्तावण सुवाळयावेळार मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

ह्यावेळार केंद्रीय मंत्री प्रल्हद जोशी,गोंय वजन आनी माप खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, आनी केंद्र आनी राज्य सरकाराचे वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशील्ले.ह्या परीशदेत 25 राज्यातल्या नियंत्रकानी तशेंच केंद्र शासीत प्रदेशाच्या नियंत्रकांनी वाटो घेतला. गिऱ्हायकाक बरी सेवा दीतना डीजीटल माध्यमाचो उपेग करून सुटसुटीत सेवा दीवप आनी हे करतना उद्देजगांक कमीत कमी अनुपालन करपाच्या नदरेतल्यान वजन आनी माप मंत्रालय काम करता अशे केंद्रीय वजन आनी माप खात्याचे मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी म्हळा.

हे करतना बऱ्या उत्पादनांची निर्मिती तशेच दर्जो राखुन गिऱ्हायकांक बरी सेवा दीवपाकुय आम्ही महत्व दीता अशे तांणी म्हळा.गोंयात वजन आनी माप खात्याची परीक्षण प्रयोगशाला स्थापन करपाचो विचार सूरू आसा अशी म्हायती तांणी दीली

ह्या परीशदेतल्यान वेगवेगळया राज्यातले वजन आनी माप खाते कशा पद्धतीन काम करता,तांच्यो सर्वोत्तम पद्धती खंयच्यो त्यो कळपाक आनी आपणावपाक मजत जातली अशे मंत्री दीगंबर कामत हांणी म्हणला. ह्या परीशदे उपरांत श्वेतपत्रीका तयार करतले.हाचेर वजन आनी माप खात्याची फुडली महत्वाची धोरणा आखपाच्या नदरेतल्यान काम सूरू जातले अशी म्हायती केंद्रीय गिऱ्हायक वेव्हार मंत्रालयाचे सचीव भारत खेरा हांणी दील्या.परीशदेत वजन आनी माप खात्याची डीजटलायस्ड सेवा नवी यंत्रणा, उद्देजकांक वेवसाय करतना सुटसुटीतपणा, गिऱ्हायकाचे हक्क,तशेंच वजन आनी माप खात्याच्या कामकाजा वीशी चर्चा जाली.

राश्टवादी कोंग्रेस पक्ष गोयांत जावपी जिल्हो पंचायत वांगडी तशेंच नगरपालीकेची  वेंचणुक लढयतली  अशी म्हायती राश्टवादी पक्षाचे राश्टीय मुखेल म्हणयारे ब्रीजमोहन श्रीवास्तव हांणी पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत म्हणले. राश्टवादी पक्ष  वेंचणुक स्वबळाचेर वेचणूक लढयतले,सध्या तरी गोंयात  हेर पक्षाकडे युती करपाचो राश्टवादी पक्षाचो वाचार ना अशे तांणी म्हणला.गोयात पक्षाची बांदावळ घटमुट करपाच्या नदरेतल्यान काम सुरू जाला.

दीवाळेच्या फांटभुयेर राश्टवादी पक्षान नरकासुर तशेंच eco friendly आकाशकंदील सर्तीचे आयोजन केल्ले.ह्या सर्तींक गोंयकांरांकडल्यान उपाट प्रतीसाद मेळ्ळा अशे श्रीवास्तव हांणी म्हळा.जाल्यार नाताळाच्या परबेक राश्टवादी पक्षावतीन  नखेत्र तयार करपाची सर्त आनी  गोठो तयार करपाची सर्त आयोजीत करतले अशी म्हायती तांणी दील्या.

सरगेस्त मंत्री रवी नायक आयज आमचे वांगडा नासलो तरी तांचो आशीर्वाद उसगांवच्या बाजार प्रकल्पार  आसा. उजगाव हांगा बरो बाजार प्रकल्प बांदचो अशें तांकां दिसतालें, देखून ह्या बाजार प्रकल्पाक सरगेस्त मंत्री रवी नायक हांचे नांव दितले अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली. राज्य शार उदरगत एजन्सीच्या सहकार्यान उजगांव गंजे ग्राम पंचायतीन पंचायतीच्या सातव्या वॉर्डांतल्या बाजार प्रकल्पाची पुनर्बांदणी आनी जीर्णोध्दार करपाची बुन्याद घालपाच्या सुवाळयांत आयज ते उलयताले. हो प्रकल्प सुमार 25 कोटी रुपया मोलाचो आसा आनी तातूंत 500 जाणांक बसपाची तांक आशिल्लो मल्टिप्लेक्स, सभाघर, खरेदी संकुल, तातूंत जायत्यो सुविधा मेळटल्यो, प्रेस रूमूय आसतलो अशे मंत्री

विश्वजित राणे हानी ह्या वेळार उलयतना सांगले. पांच वर्सां हो प्रकल्प जी सुडा सांबाळटलो जाल्यार पंचायतीक अतिरिक्त पयशे खर्च करपाची गरज पडची ना अशें मंत्री राणे हांणी सांगलें. उजगांव आनी सत्तरी हांगा सी केअर भलायकी सुविधा सुरू जातली, जाचे खाला एम्ब्युलन्स आनी तीन भलायकी कर्मचारी आसतले अशें मंत्री राणे हांणी मूखार उलयतना सांगले.

देशाच्या वेगवेगळया भागात आज सावन चार दिस चलपी छठ पूजा उत्सवाक सुरुवात जाल्या. हे उत्सव निसर्गाची आणि स्वच्छतेची उपासना करपी सूर्यदेवाक समर्पित आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीनी छठ महापर्वानिमित्त देशभरातल्या आणि जगभरातल्या भाविकांक शुभेच्छा दिल्यात.

फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देश वीदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडतले . म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 127वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, आकाशवाणी न्यूज संकेतथळ आनी न्यूजएअर मोबायल ॲपां वरवी हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच आकाशवाणी न्यूज, दूरदर्शन न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलाचेर लायव्ह प्रसारण जातलें.

मडगावचो नामनेचो दिंडी उत्सव फुडल्या सप्तकात जावपाचो आसा. ते फाटभुंयेचेर आयज मडगांवां दिंडी पथक कार्यशाळेचे फातोड्डेचे आदले आमदार दामोदर नायक हांचे हस्तुकी उक्तावण जाले. मडगावच्या दिंडी उत्सवाक ११६ वर्सांची व्हड परंपरा आसा. आनी दिंडी उत्सव हे मडगावकरांचे एक भूषण अशें नायक हांणी ह्यावेळार सांगलें.फातोड्डेच्या दामबाबाचे घोडे हे संस्थेन ही कार्यशाळा मडगावच्या रवीन्द्र भवनात आयोजीत .ह्या कार्यशाळेत शंभरावयर तरनाटे वांटेकार जाल्यात. तांकां दिंडेवेळार ताळ आनी मृदंगाचो कसो उपेग करप आनी दिंडेच्या हालचाली कशो आसतात हांचेर सागर बोरकार, चेतन नायक, अजय सतरकार आनी साईश म्हामल हानी मार्गदर्शन केले.

स्वशिस्त तिगोवन दवरल्यारूच विद्यार्थी आपल्या जिवितांत कितें तरी करपाक शकता अशें मडकई पंचायतीचे वांगडी दुर्गादास नायक हांणी सांगलें. आयज मडकईच्या पीसफुल सोसायटी हॉलांत श्री अमेय उच्च माध्यमीक शाळेच्या 30व्या वर्सुकी राष्ट्रीय सेवा येवजणेच्या निवासी शिबिराचें उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले. पुस्तकी शिक्षणापरस अशा शिबिरांनी वेव्हारीक शिक्षण आमच्या जिवितांत चड उपेगी पडटा अशेंय श्री नायक हांणी स्पश्ट केलें. जिणेंत येस मेळोवपा खातीर विद्यार्थ्यांक नोकरी आनी वेवसाय करपा खातीर पयशांची गरज आसता, पूण त्याच वेळार मुल्यां आनी चरित्र तिगोवन दवरपाचो चड यत्न करचो अशें अमेय विद्याप्रसारक मंडळाचे अध्यक्ष आनी कार्यावळीचें येजमान संदीप खांडेपारकर हांणी सांगलें. श्री अमेय उच्च माध्यमिक शाळा सुरू सावन सतत राष्ट्रीय सेवा येवजणेचे शिबिर घडोवन हाडटा आनी जायत्या विद्यार्थ्यांनी ह्या शिबिरांचो लाव घेवन आपली कारकीर्द घडयल्या अशें प्राचार्य सुभाष जाण हांणी सांगलें

भलायकेन भरिल्ल्या आनी समृध्द जिणे खातीर तरणाट्या पिळगेन गोरवाचे पालन आनी संवर्धन हांचे कडेन स्वरोजगाराच्या नदरेन पळोवचें" अशें आवाहन भारतीय किसान संघाचे शिरोडा ग्राम समितीचे अध्यक्ष सुजय प्रभुदेसाय हाणी केले.शिरोडा ग्राम समितीन दिवाळी पाडव्याच्या निमतान आयोजीत केल्ल्या सामुहीक गोपूजन कार्यावळींत ते उलयताले.

गोंयांत फाटल्या दोन दिसां सावन पावसान नेट धरला. फाटल्या 24 वरांत सरासरी 76 मिमी. इतक्या पावसाची नोंद जाल्या. आयएमडीन फुडल्या चार दिसां खातीर येलो अलर्ट जारी केला.ह्या काळात वारो गडगड आनी जोगला मारून पावस पडटलो अशी शिटकावणी वेधशाळेन दील्या. पणजेत कमाल तापमान 28 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 23.5डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला

भारतीय जीवन विमा महामंडळ म्हळयार LIC न वॉशिंग्टन पोस्टच्या फटीच्या वृत्तांचे खंडन केले, ज्यातुन एलआयसीचेर अदानी ग्रुप ऑफ कंपनीसात निधी गुंतोवपाक आणि बाह्य घटकांच्या प्रभावाखाला गुंतवणूकीचे निर्णय घेवपाक रोडमॅप तयार केल्याचो आरोप केला. एलआयसीन परत एकदा सांगले की सगळी गुंतवणूक प्रामाणिकपणा आणि योग्य ती जतनाय घेऊन करतात. द वॉशिंग्टन पोस्टन केलले आरोप फटीचे आणि निराधार आस अशें म्हणला

Sketing association ऑफ गोवा वतीन बेतूळ हांगा ONGC हेली पेडाचेर 26 oct राक 8 वी राज्य स्त्रीय रोलीग Sketing सरत जातली. हातूतले खेळगडे 5 ते 15 डिसेंबर मज गती जावपी भारतीय रोलर Sketing महासंघाच्या 63 व्या स्पीड Sketing सरती खातीर वेचतले

पंजाबातल्या अमृतसर हांगा जावपी राष्ट्रीय सब जुनीयर चल्याच्या फुटबॉल सरती खातीर गोवा फुटबॉल association न पगड जाहीर केला.

मडगाव क्रिकेट युथ क्लबान गोंय खेळा प्राधिकरणाच्या सहकार्यान 27 oct ते 1 nov मजगती कोंकण रलेवे मैदान फातोरडा चिखली आणि आंगोद हांगा आयोजित केला

गोयच्या 19 वरसा सकयल्या बायला क्रिकेट पगडात मये कारभाट हांगाचे रक्षदा स्वपनेश कळंगूटकार ह्यांची nov त जावपी t 20 सरती खातीर निवड जाल्या.